# <u>शेतकी खात्याचो जून म्हयन्याचो नियाळ</u>

ता. 8 जुलय 2020

ह्या वर्सा जून म्हयन्यातच पावसाची बरी सुरवात जाल्ल्यान राज्यांत सगळीं कडेन खरीप भात लागवडीक नेटान सुरवात जाली. आता मेरेन शेतांतली चडशी कामां पुर्ण जाल्ली आसा. पावसाक सुरवात जावचे पयली शेतकी खात्यान विंगड विंगड वाठारांत शेतकारांनी खात्याच्या अनुदान येवजणेचो लाव घेवन विकतीं घेतिल्ली शेती कामांची मशीनरी आनी यंत्रांची दुरूस्ती करपा खातीर विंगड विंगड वाठारांत दुरूस्ती शिबीरां आयोजीत केली.

उत्तर गोंयांत शेती तंत्रज्ञान वेवस्थापन एजन्सीन कृषी विज्ञान केंद्राच्या सहकार्यान हळदीच्या पीक लागवडीचेर तीन प्रशिक्षण शिबीरां घेतली आनी तिसवाडी, दिवचल, सत्तरी, पेडणे आनी बार्देस म्हलांत 35 कडेन प्रात्यक्षीकां आयोजीत केली. तशेंच दक्षीण गोंयांत शेतकारांखातीर 17 प्रशिक्षण शिबीरांचे आयोजन करून शेतकारांक खरीप पीक लागवडीविशीं म्हायती दिली. तशेंच जनांवरां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्याच्या सहकार्यान शेतकारांखातीर 18 शिबीरां घेतली. सांगे आनी काणकोण तालुक्यातल्या 9 आप मजत गटांक गांवठी आनी बासमती भात लागवड आनी भाज्यों लागवडीक उर्बा दिली.

पेडणेच्या विभागीय शेतकी अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान शेतकारांक 50 टक्के अनुदान किंमतीत भाज्यांच्यो बियों आनी हायब्रिड भात बियाणे वितरीत केले. पार्से, कोरगांव, इब्राम्हपूर, धारगळ, नागझर हांगा हळद लागवडीचेर प्रात्यक्षीकां आयोजीत केली.

वाळपयच्या विभागीय शेतकी अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान शेतकारांक लागवड करपाक हळदीचे वाटप केले. तशेंच हरवो चारो लागवड आनी काजू कलमां लागवडीची प्रात्यक्षीकां आयोजीत केली. तिसवाडीच्य विभागीय शेतकी अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान नेवराच्या शेतकारांकडेन खाजन शेत लागवडीविशीं बसका घेवन मार्गदर्शन केले. तशेंच तिसवाडीतल्या 125 शेतकारांक मेळून 38.5 किलो भाज्यांचे बियाणे वाटले.

फोंडेच्या विभागीय शेतकी अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान शेतकारांक काजू झाडाक लागपी रोगाआड उपाय करपाचे प्रशिक्षण दिले. बोरी आनी कुंडयच्या 14 शेतकारांक भात बियाणे वाटले. शेतकी खात्यान हेर तालुक्यातल्याय शेतकारांक भाज्यों आनी भात बियाणांचे वाटप केले आनी लागवडीविशीं मार्गदर्शन केले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/370

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA